Panaji

National News

19 April 2026,6.30pm

उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन श्रीलंकेच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसात. हे भेटीवेळार ताणी श्रीलंकेचे अध्यक्ष अनुरा कुमार डिस्सानायके वांगडा दोनूय देशां मदले बहुआयामी संबंद आनीक घटमूट करपा खातीर विंगड विंगड विशयांचेर अर्थपूर्ण चर्चा केली. हे बसकेंत उपराष्ट्रपतीनी 'शेजार पयली' धोरणाचेर भारताची वचनबद्धताय परतून उक्तायली आनी परस्पर हित आनी उदरगती खातीर सतत सहकार्याचेर भर दिलो. उपराष्ट्रपती राधाकृष्णन हांणी श्रीलंकेचे प्रधानमंत्री डॉ हरिणी अमरसुराय वांगडा उलोवप केले . ह्यावेळार, लोका-लोकां मंदी संबंदासयत द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाचेंर दोनुय फुडाऱ्यांनी चर्चा केली.

तृणमूल काँग्रेस राजवटींत जाल्ल्या भ्रश्टाचार आनी अत्याचाराक लागून अस्तंत बंगालांतल्या लोकांमदीं भंयाचे वातावरण निर्माण जाला असो आरोप प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केला. लोक आतां भाजपाचेर विस्वास दवरतात अशे पुरुलियांत वेंचणुकेचे रॅलीक मार्गदर्शन करतना ताणी म्हणला. भाजपा सरकारानच आदिवासीं खातीर वेगळें मंत्रालय स्थापन केलें आनी तांच्या उदरगती खातीर निधी दिला अशे ताणी मुखार म्हणला.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग 21 एप्रीलाक तीन दिसांच्या जर्मन भोवनडेर वतले. ह्यावेळार सद्याच्या संरक्षण सहकार्याच्या प्रस्तावांचो नियाळ घेतले आनी दोनूय देशांच्या संरक्षण उद्देगां मदल्या सहकार्याची नवी संद सोदपा विशी भासाभास जातली अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग जर्मनीचे संरक्षण मंत्री बोरीस पिस्टोरियस वांगडा उलोवणी करतले. संरक्षण उद्देगीक सहकार्य वाडोवप, लश्करी संबंद घटमूट करप आनी सायबर सुरक्षा, कृत्रीम गुप्तचर आनी ड्रोन अशा उदयाक येवपी वाठारांचेर हे

उलोवणींत भर दितले. द्विपक्षीय संबंद घटमूट करप आनी प्रादेशिक आनी संवसारीक शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दींत योगदान दिवप हो हे भेटीचो हेत आसा.

सगल्या राजकी पक्षांनी वेंचणुके वेळार सोशल मिडिया आनी डिजिटल प्लॅटफॉर्मांचो जापासालदार आनी नैतीक वापर सुनिश्चीत करचो अशें भारतीय वेंचणूक आयोगान सांगलां. सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मांनी खंयचीय चुकीची, बेकायदेशीर म्हायती मेळ्ळयाउपरांत तीन वरां भितर कारवाय करची असो आयोगान निर्देश दिला.

देशभरांतल्या रस्त्यांची सुरक्षीतताय सुदारपाखातीर सर्वोच्च न्यायालयान मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. प्रशासकीय चूक वा मुळाव्या साधनसुविधांच्या उणाव हाका लागून एक्सप्रेस वे धोक्याचे रस्ते जावंक फावना अशें न्यायालयान सांगलां. टाळपाक येवपी धोक्यांक लागून मनशाक मरण आयलें तर ते सरकाराचें अपेस दाखयता अशें न्यायालयान सांगलें. मुखेल रस्त्याचेर वा राष्ट्रीय म्हामार्गाचे पक्के वटेन फकत थारायिल्ल्या पार्किंग जाग्यार वा रस्त्या कुशीक अधिकृत सुविधा सोडल्यार खंयचेच जड वा वेवसायीक वाहना उबीं करची न्हय असो आदेश न्यायालयान दिला,. तशेंच राष्ट्रीय म्हामार्गांच्या हद्दीत खंयचेय नवे ढाबे खानावळ चलोवपाचेर वा वेवसायीक बांदकामचेर न्यायालयान तात्काळ बंदी घाल्या.

हवामान आनी वायु प्रदुशणाचो अभ्यास करपा खातीर आनी हवामानाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर तयार केल्लो ‘जी20 उपगिरो’ 2027 वर्सा प्रक्षेपित जावपाचो आसा अशें इसरोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हाणी सांगले . ताणी हैदराबादांतल्या ‘इंजिनियरिंग स्टाफ कॉलेज ऑफ इंडिया’ हांगा DRDO, ISRO आणि 'एरोनॉटिकल सोसायटी ऑफ इंडिया' च्या शास्त्रज्ञांक मार्गदर्शन करताना सांगले.

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.
उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब

आसचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे7:30 वरांचेर पंजाब किंग्स आनी लखनौ सुपर जायंटस पंगडामदि खेळ जातलो .

भारतीय हवामान खात्यान फुडले दोन दीस दक्षिण आंतरीक कर्नाटक, तेलंगणा, विदर्भा, आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंयांतय गडगड आनी वीज पडटली असो अदमास उक्तायला.